# 13 आनी 14 नोव्हेंबराक राज्य युवा महोत्सवाचे आयोजन

ता. 10 ऑक्टोबर 2024

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन ता. 13 आनी 14 नोव्हेंबर 2024 दिसा कला अकादमी, पणजी हांगा राज्य युवा महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. राज्य पांवड्यावयल्या पयल्या जैतवंतांची राष्ट्रीय युवा महोत्सव 2025 खातीर निवड जातली.

लोकनाच (पंगड), लोकगीत (पंगड), लोकनाच (सोलो), लोकगीत (सोलो), कथा लेखन, पोस्टर, वक्तृत्व, कवीता, हस्तकला, लुगट आनी कृशी उत्पादन अशा प्रकारांत कुशळटाय सर्ती जातल्यो. सर्तींनी वाटो घेवपी युवकांची पिराय 16 जानेवारी 2025 दिसा 15 ते 29 वर्सां मजगती आसपाक जाय.

युवक/पंगडांनी आपले अर्ज पिरायचो दाखलो म्हूण आधार कार्ड वा जल्म दाखलो आनी बँक पासबुक प्रती सयत http://forms.gle/forms.gle/TQseNQ9zBbSmLc5PA चेर 30 ऑक्टोबर 2024 मेरेन धाडचे. खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याच्या http://dsya.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर लिंक अपलोड केल्लो आसा. चड म्हायती खातीर एपीईओ श्रीमती सिंथीया सिक्वेरा हांचेकडेन 9823393657 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/558

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.